**<u>मुख्यमंत्र्याकडल्यान पत्रकारांक राष्ट्रीय पत्रकारीता दिसाची परबीं</u>**

ता. 15 नोव्हेंबर 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी राष्ट्रीय पत्रकारीता दिसानिमतान पत्रकारांक परबीं भेटयल्या.

मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, भारतीय पत्रकारीता मंडळाच्या स्थापनेच्या उगडासाक राष्ट्रीय पत्रकारीता दीस मनयतात. भारतीय पत्रकारीतेच्या दर्जाचेर देखरेख दवरपा खातीर 16 नोव्हेंबर 1966 वर्सा भारतीय पत्रकारीता मंडळाची स्थापना जाली. भारतीय पत्रकारीता मंडळ प्रसार माध्यमांखातीर नैतिक पारेकाराची भुमिका बजावता आनी त्याखातीर हो दीस देशातल्या मुक्त आनी जबाबदार पत्रकारीतेचे प्रतिक आसा.

पत्रकारांनी लोकहिताच्या प्रस्नांचेर उजवाड घालपाची गरज आसा. लोकशाय समाजाच्या विकासात मुक्त आनी स्वतंत्र पत्रकारीतेचेर लोकजागृताय करपाची गरज आसा. राष्ट्रीय पत्रकारीता दिसाच्या प्रसंगार हांव प्रसार माध्यमांच्या म्हज्या इश्टांक काळजासावन परबीं भेटयता. कोवीड म्हामारीच्या काळांत तुमी निभायिल्ल्या धीटायेच्या भुमिकेक हांव सलाम करता आनी तुमी समाजाचे बरें वायट पारखुपाचे काम हे फुडेंय करीत रावतले, अशी आस्त बाळगीता, अशें मुख्यमंत्री आपल्या संदशात म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/949

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji